**गोंयच्या उत्पादनांक जीआय टॅग मेळोवपा खातीर काम करपाची गरज: मुख्यमंत्री**

ता. 21 सप्टेंबर 2021

गोंयच्या चडांत चड उत्पादनांक भुगोलीक चिन्ह (जीआय टॅग) मेळोवपा खातीर काम करपाची गरज आसा, जेणे करून गोंयची 'फेणी' आनी 'खाजे' ह्यासारख्या उत्पादनांचो वेवसायात करपी गोंयच्या उद्देजकांक तशेंच 'खोला मिरचीचे' उत्पादन घेवपी शेतकारांक आपल्या उत्पादनांचे बौद्धिक संपदा हक्क मेळपाक मदत जातली. तशेंच आंतरराष्ट्रीय बाजारात गोंयच्या उत्पादनांची मागणी वाडून निर्यातीचे मार्ग उक्ते जातले. आनी हाका लागून एकंदरीत गोंयांतल्या अन्न प्रक्रिया उद्देगांक चालना मेळटली, अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज इंटरनॅशनल सेंटर गोवा, दोनापावला हांगा 'वाणिज्य उत्सवा' चे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

राज्यांतल्या कांय मुखेल निर्यातदारांचेर लक्ष केंद्रित करून तशेंच राज्यांतल्या उद्देजकांक शेती आनी प्रक्रिया अन्न उत्पादन निर्यात विकास प्राधिकरण, कस्टम, विदेश वेव्हार अशां सरकारी यंत्रणांकडेन चर्चा करपाक राज्यांतल्या उद्देजकांक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवपाखातीर भारत सरकाराचो वाणिज्य विभाग आनी राज्य उद्देग विभागान कॉटन टेक्सटाईल एक्सपोर्ट प्रमोशन कौन्सिलच्या सहकार्यान 'वाणिज्य उत्सव' आयोजन केला. हो उत्सव "आझादी का अमृत महोत्सवाचो " भाग म्हुण आयोजीत केला.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले नवीन संधींचो सोद घेवन नवीन बाजारपेठांनी प्रवेश करून गोंयची निर्यात क्षमता वाडोवपाचे ध्येय निश्चित करपाक जाय. आम्ही भारतातले सगळ्यांत ल्हान राज्य आशिल्ल्यान आमची ल्हान लोकसंख्या आनी जमीन सारख्या मर्यादित सैमाक संसाधनांक लागून आमच्या मुखार विकासाची वेगळी आव्हानां आसात. गोंयांक निर्यात केंद्र करपा खातीर हातांत हात घालून काम करपाची गरज आसा आनी हे उदीश्ट साध्य करपा खातीर आमी कित्ये

करपाक जाय हाचेर येणाऱ्या काळांत कार्यशाळा, वादविवाद आनी चर्चासत्रां जातली, अशें तांणी सांगलें.

राज्यांत नवीन गुंतवणूकी खातीर पोशक वातावरण निर्माण करपाची गरज उक्तावन मुख्यमंत्र्यान नुस्तेमारी, शेती, पर्यटन आनी वखदां वेवसाय मळार गोंयची मजबूत बाजू आशिल्ल्याचे म्हणले. गोंयांत टायर, ट्युब, सिमेंट, इलेक्ट्रिकल मशीनरी, ऑटोमॅटीक वॉशिंग मशीन, प्रिंटेड सर्किट बोर्ड ह्यासारख्या कंपन्यांची उत्पादनां तयार जातात. गोंयांत काजू प्रक्रिया उद्देगय चलता. गोंयचो फार्मास्युटिकल उद्देग भारतात उत्पादित जावपी वट्ट वखदां उत्पादना पैकी 12% उत्पादन करत आनी उत्पादनापैकी 70% उत्पादन जगातील्या विकसित देशांनी निर्यात करता.

डॉ.सावंत हांणी फुडें म्हणले गोंयांत उद्देगांक आवश्यक आशिल्ले मनीसबळ तयार करपा खातीर IIT, NIT, BITS, GIM, फार्मसी, इंजिनीअरिंग कॉलेज अशों संस्थां आसात. गोंय समुद्री आनी हवाई मार्गान लेगीत जोडिल्ले आसा. गोंय राज्य इनोव्हेशन कौन्सिल राज्यांत नाविन्यपूर्ण उपक्रमाखातीर पावलां मारता, अशें तांणी म्हणलें.

नीती आयोगाच्या शाश्वत विकास ध्येयांचेर (एसडीजी) गोंयची स्थिती सुदारपाखातीर राज्य सरकारान त्या दृश्टीन काम करपा खातीर 16 विभागांक एसडीजी विभागाची स्थापना करपाक सांगला. एसडीजी इंडिया इंडेक्सात 2019 सावन 7 व्या स्थानार आशिल्ले गोंय 2020 त 3 ऱ्या स्थानार पावला, ही समाधानाची गजाल जावन आसा, अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगलें.

गोंयांत निर्यात वाडीखातीर सरकारान मोपा ग्रीनफिल्ड विमानतळाचे बांधकाम, **लॉजिस्टिक इन्फ्रास्ट्रक्चर** , झुआरी पुलाचे बांदकाम आनी हेर प्रकल्पांचेर भर दिल्लो आसा. सरकारान प्रक्रिया उद्देगांचेरय खास भर दिल्लो आसा, असेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

केंद्रीय पर्यटन राज्य मंत्री श्री श्रीपाद नाईक हांणी ह्या वेळार उलयताना गोंय राज्य बंदर, रेल्वे, रस्ते आनी विमानतळान जोडिल्ले आशिल्ल्यान निर्यातीक भरपूर वाव आशिल्ल्याचे सांगलें. तशेंच गोंयांत उपलब्ध आशिल्ल्यो पायाभूत सुविधां, फार्मास्युटिकल्स उद्देग, बायोटेक्नॉलॉजी आनी आयटी सारख्यो संस्थां निर्यात उद्देग मळाक उपयुक्त आसात, अशेंय तांणी सांगलें.

उददेगमंत्री श्री विश्वजित राणे हांणी सांगलें, राज्यांत विदेशी गुंतवणूकीक आकर्शीत करपाखातीर सरकार "इझ ऑफ डुइंग बिझनेस" च्या माध्यमातल्यान उद्देगाक बळकटी दिवपाचे यत्न करता. आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंयचें उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर कुशळ मनीबळ निर्माण करपाखातीर प्रशिक्षण आनी दिशानिदेशन म्हत्वाचे आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

निर्यात आयुक्त, गोंय श्री जे अशोक कुमार, आयएएस, आनी भारत सरकाराच्या वाणिज्य विभागाचे जोड सचिव अमिताभ कुमार हांचेय ह्या वेलार उलवप जालें.

सुरवातीक टेक्सप्रोसिल चे अध्यक्ष श्री मनोज पाटोडिया हांणी येवकाराचे उलवप केले जाल्यार उद्योग, व्यापार आना वाणिज्य संचालक श्रीमती श्वेतिका साचन हांणी उपकार मानले.

श्री सुभाष जाण हांणी सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/783

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji